**गोरवांच्या पावलांक आनी तोंडाक जावपी रोगाआड लसीकरण कार्यक्रम**

ता. 7 ऑगस्ट 2024

गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा संचालनालया वतीन केंद्र सरकारच्या राष्ट्रीय पशुरोग नियंत्रण कार्यक्रमा खाला ता. 19 ऑगस्ट 2024 सावन राज्यांत गोरवांच्या पावलांक आनी तोंडाक जावपी रोगाआड लसीकरण कार्यक्रमाची अंमलबजावणी करपात येतली. हो कार्यक्रम 30 दीस चलतलो. हेडगीं जनावरां सयत सगळ्यां गोरवांक आनी म्हसींक वासीन दिवपाचो यत्न आसतलो. जनावरांची रोग प्रतिकार शक्त तपासपा खातीर भारत सरकारान दिल्ल्या यादी प्रमाण निवडक गांवांतल्यान वासीन दिवचें पयली आनी वासीन दिले उपरांत जनावरांचो सेरा नमुनो घेतले.

तशेंच वासीन दिल्ल्या जनावरांची वळख आनी म्हायती दवरपा खातीर तांच्या कानांक टॅग लायतले. गोरवांच्या पावलांक आनी तोंडाक जावपी हो रोग संसर्गीक आसून ह्या रोगाक लागून दुद उत्पादनात लुकसाण जाता. दुद शेतकारांनी आपल्या जनावरांक वासीन दिवपा खातीर खात्याच्या कर्मचाऱ्यांक सहकार्य करपाची वनंती केल्या.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/373

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.